Panaji National 23rd March 2026 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्शतेखाला काल सुरक्षा विशीच्या मंत्रीमंडळ समितीची बसका जाली.

देशभरांत गरजेच्या इंधनाची उणीव ना अशें आश्वासन सरकारान दिला.PNG कनेक्शनाच्या विस्ताराचेर भर दिला.

अमेरिकेन इराणाच्या वीज प्रकल्पांचेर हल्लो केल्यार होर्मुझ सामुद्रधुनी पुरायपणान बंद करपाची धमकी इराणान दिल्या.

आसाम, केरळम आनी पुडुचेरींत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज सादर करपाची प्रक्रिया आज सांजवेळा सोंपता.

Sarkar aaj महत्त्वाच्या आणि धोरणात्मक खनिज ब्लॉक्सच्या पावणेचो सातवो टप्पो सुरू करतले.

स्क्वासांत डिफेंडिंग चॅम्पियन अनाहत सिंगान मुंबयंत जाल्ल्या इंडियन ओपनांत बायलांच्या एकोडी गटांत खिताब जिखलो; अभय सिंगान दादल्यांच्या एकोडी गटांत जैत मेळयलें.

PM – 170

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाच्या फाटभुयेर परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर काल सुरक्षा विशीच्या मंत्रीमंडळ समितीच्या बसकेची येजमानकी चलयली. मोदी हांणी सांगलें, हो संघर्श ही एक सतत बदलपी परिस्थिती आसा आनी पुराय संवसाराचेर ताचो कसलो ना कसलो परिणाम जाला. अशे परिस्थितींत ह्या संघर्शाच्या परिणामा पासून नागरिकांक राखण दिवपा खातीर सगळे यत्न करचे पडटले अशें तांणी सांगलें.

तशेंच म्हत्वाच्या वस्तूंची साठेबाजी आणि काळाबाजार जावचो न्हय हे खातीर राज्य सरकारां कडेन योग्य समन्वय सादचो अशें तांणी सांगलां.मंत्री आनी सचीव हांचो आस्पाव आशिल्लो गट तयार करपाचो निर्देश प्रधानमंत्र्यान दिलो,

प्रधानमंत्र्यांच्या कार्यालयाच्या निवेदना प्रमाण बसके वेळार cabinet सचीव डॉ टी व्ही सोमानाथन हांणी संवसारीक परिस्थितीचेर आनी सगळया संबंदीत मंत्रालयांनी आनी खात्यांनी आतां मेरेन घेतिल्ल्या आनी नियोजीत केल्ल्या उपाय येवजणे विशीं सविस्तर सादरीकरण केलें. गरजेच्या वस्तूंची सतत उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर अल्पकालीन, मध्यमकालीन आणि दीर्घकालीन उपायांचेर सविस्तर चर्चा जाली.

PM Meeting – 110

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अस्तंत आशियांतल्या बदलत्या परिस्थितीच्या फाटभुयेर पेट्रोलियम, कच्चें तेल, वायू, वीज, आनी सारें क्षेत्रांच्या स्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर उंचेल्या पांवड्यावेल्या बसकेची अध्यक्षता केली. देशभरांत अखंड पुरवण, स्थिर logistics आनी कार्यक्षम वितरण सुनिश्चीत करप हो नवी दिल्लींत जाल्ले ह्या बसकेचो मुखेल हेत आशिल्ल्लो. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह, अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन, परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर, कृषी मंत्री शिवराज सिंह चौहान, पेट्रोलियम आणि नैसर्गिक वायू मंत्री हरदीप सिंह पुरी, वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पीयूष गोयल, रसायन आणि सारें मंत्री जे.पी. नड्डा, नागरी विमानन मंत्री के. राममोहन नायडू, ऊर्जा मंत्री मनोहर लाल आणि माहिती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव ह्या बसकेक हजर आशिल्ले.

Govt. west asia – 100

देशभरांत गरजेच्या इंधनाची उणीव ना अशें आश्वासन सरकारान दिलां; तेल refineries पुराय क्षमतेन काम करतात आनी पेट्रोल आनी डिझेलाचो फावो तो सांठो उपलब्ध आसा. किरकोळ दुकानांनीय कसलोच उणाव जाल्ल्याची नोंद जावूंक ना. घरगुती एलपीजी सिलिंडराची पुरवण सुरळीत सुरू आशिल्ल्याचे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान निवेदनांत म्हळां. तशेंच सरकारान राज्यांक वेपारी एलपीजीचें वाटप वाडयलां-शिक्षण संस्था आनी हॉस्पिटलां सयत मुखेल क्षेत्रांक प्राधान्य दिला -आनी पीएनजी कनेक्शनच्या विस्ताराक प्रोत्साहन दितात अशेंय निवेदनांत म्हळां.

तशेंच राज्यांक घरगुती आनी वेवसायीक गिरायकां खातीर नवीं PNGconnections सोपी करपाचो सल्लो दिला. एलपीजीचो साठा आणि काळाबाजार आडावपा खातीर वेग वेगळया राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी धाडी घालप चालू आसात अशें मंत्रालयान सांगलां.

Iran – 70

अमेरिकेन इराणाच्या वीज प्रकल्पांचेर हल्लो केल्यार इराण होर्मुझ सामुद्रधुनी पुरायपणान बंद करतलो आनी इराणाचे वीज प्रकल्प परतून बांदले बगर उदकामार्ग उगडचो ना अशी शिटकावणी इराणाच्या इस्लामिक रिव्हॉल्युशनरी गार्ड कोर (IRGC)न दिल्या.

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणान 48 वरां भितर होर्मुझ सामुद्रधुनी उत्ती केली ना जाल्यार इराणांतल्या वेगवेगळ्या वीज प्रकल्पांचेर हल्लो करून नश्ट करतले आनी हाजी सुरवात सगळ्यांत व्हडल्या वीज प्रकल्पाचेर हल्लो करून कृतले अशी शिटकावणी दिल्या उपरांत आयआरजीसीचें हें निवेदन आयलां.

Nominations – 100

आसाम, केरळम आनी पुडुचेरींत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज सादर करपाची प्रक्रिया आज सांजवेळा सोंपता. फुडल्या म्हयन्याच्या णव तारखेक दोनूय राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांत एकाच टप्प्यांत मतदान जातलें. मंगळारा उमेदवारी अर्जांची छाननी जातली. उमेदवारी फाटीं घेवपाची निमाणी तारीख आसा 26 मार्च.

तमिळनाडूंत 23 एप्रीलाक एकाच टप्प्यांत मतदान जातलें. अस्तंत बंगालांत 23 आनी 29 एप्रीलाक दोन टप्प्यांनी मतदान जातलें. तमिळनाडू खातीर आनी अस्तंत बंगालांतल्या वेचणुकेच्या पयल्या टप्प्या खातीर अधिसुचोवणी ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखेक जारी जातली. अस्तंत बंगालांतल्या वेंचणुकेच्या दुसऱ्या टप्प्याखातीर अधिसुचोवणी 2 एप्रीलाक जारी जातली. चारय राज्यां खातीर आनी केंद्रशासीत प्रदेशा खातीर मतमेजणी मे म्हयन्यांत 4 तारखेक जातली.

Kerala - 40

भारतीय जनता पक्षान केरळांत जावपी विधानसभा वेंचणुके खातीर उमेदवारांची आनीक एक वळेरी जाहीर केल्या. वर्कला विधानसभा मतदारसंघांतल्यान ॲड. एस. स्मिता हांका उमेदवारी दिल्या. केरळांतल्या 140 वांगड्यांच्या विधानसभे खातीर 9 एप्रीलाक मतदान जातलें, आनी 4 मे दिसा मतांची मेजणी जातली.

Mines auction – 50

केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी आज महत्त्वाच्या आणि धोरणात्मक खनिज ब्लॉक्सच्या पावणेचो सातवो टप्पो सुरू करतले. या सातव्या टप्प्यात खण लीज (Mining Lease) आणि कॉम्पोझिट लायसन्स खाला वेगवेगळ्या राज्यांतल्या 19 ब्लॉकांचो आस्पाव जाता. ह्या ब्लॉकांत निवळ ऊर्जा, प्रगत तंत्रज्ञान, खत उद्योग आणि धोरणात्मक उद्योगांखातीर गरजेची वेगवेगळ्या खनिजांचो आस्पाव जाता.

SC prisons – 70

सर्वोच्च न्यायालयान सगळ्या राज्यांक आनी केंद्रशासित प्रदेशांक बंदखणीच्या परिस्थिती विशीं अद्ययावत डेटा 18 मे मेरेन सादर करपाचो निर्देश दिला, तातूंत अधिकृत क्षमता आनी गर्दीचेर उपाय काडपा खातीर घेतिल्लीं पावलां हांचो आसपाव आसा. हालींच्या एका आदेशांत न्यायमूर्ती विक्रम नाथ आनी न्यायाधीश संदीप मेहता हांच्या खंडपिठान हालींच्या आदेशांत बायलांच्या बंदखणींचो आंकडो आनी तातूंत उपलब्ध सुविधांचो तपशील मागला, -हातूंत बायल कैद्यां बरोबर रावपी भुरग्यांच्या शिक्षण आनी कल्याणा खातीरच्या उपाय येवजण्यांचो आसपाव आसा.

Bharat electricity – 100

केंद्रीय ऊर्जा मंत्री Manohar Lal हाणी वीज ही एक मुळावी गरज आसा हाचेर भर दित, सर्वसामान्यांक परवडपी वीज उपलब्ध करून दिवप गरजेचें आशिल्ल्याचे सांगले. ते नवी दिल्लीत Bharat Electricity Summit 2026 च्या समारोप सत्रात उलयताले.

ऊर्जा मंत्र्यांनी नमूद केले की Saubhagya Yojana आणि PM Surya Ghar ह्या सारक्या येवजण्यांक लागून आता देशातल्या पयसुल्ल्या वाठारांनी, तशेंच शिमेवयल्या वाठारांनी वीज पावल्या. उर्जा क्षेत्राच्या फुडारा संबंदीत मुखेल प्रस्नांचेर चर्चा करपाक हे परिशदेक लागून एक मंच मेळ्ळा अशें तांणी सांगलें. धोरण निर्माते, उद्देग फुडारी, गुंतवणूकदार, आनी नवनिर्माण करपी एकठांय येवन उर्जा क्षेत्राच्या फुडारा संबंदी विचारविनिमय करतात.ह्या शिखर सभेची फुडली आवृत्ती 2028 वर्सा गुजरातांतल्या गांधीनगरांत जातली अशें वीज मंत्र्यान जाहीर केलें.

IMD – 80

भारतीय हवामान खात्यान (IMD)न आज केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंयात उश्ण आनी दमट हवामान आसपाचो अदमास उक्तायल्या. तशेंच फुडल्या 5 दिसांत मध्य भारतातल्या चडांत चड तापमानात 3 ते 5 डिग्री सेल्सियस ल्हव ल्हव वाड जावपाचो अदमास उक्तायल.

Squash – 50

स्क्वासांत काल सांजवेळा मुंबयंत जावपी इंडियन ओपनांत अव्वल मानांकित आनी डिफेंडिंग चॅम्पियन अनाहत सिंगान बायलांचें ऐकोडी गटांतले खिताब जिखले जाल्यार अभय सिंगान दादल्यांच्या एकोडी गटांत जैत मेळयलें. अनाहत सिंगान दुसरे सुवाते वेले इजिप्ताचे खेळगदे हाना मोआटाजा चेर 3-1 अशे जैत जोडले. मजगतीं, अभय हाणें वीर छोटराणीचेर सरळ सेतांनी फक्त 32 मिनटांनी 3-शून्य अशे जैत मेळयलें.